10.02.2026 सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र - प्रादेशिक खबरा विभाग

राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल सेशेल्स खातीर १७५ दशलक्ष डॉलर्सच्या विशेष आर्थिक पॅकेजची घोषणा केली.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या मॉरिशसाचो समपदस्थ डॉ. नवीनचंद्र रामगूलम हांचे कडेन दूरध्वनीचेर संवाद सादलो.
- काल महाराष्ट्र राज्य वेंचणूक आयोगान निकाल जाहीर केल्ल्या 731 जाग्यांतल्या 552 सुवातांचेर भाजपा फुडारपणा खाला महायुतीन महाराष्ट्र जिल्हो परिषद वेंचणुकेंत व्हड जैत मेळयलां.
- भारत-अमेरिका वेपार कबलात ही राश्ट्रहिताच्या नदरेन सगळ्यांत बरी कबलात, जातूंत शेतकारांच्या हिताची पुरायपणान राखण केल्या अशें केंद्रीय शेती मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां.
- दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषक 2026च्या सगळ्या मॅचींनी पाकिस्तान वांटो घेतले हाची खात्री आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मंडळान केल्या, तातूंत 15 फेब्रुवारीक भारता आड जावपी मॅच लेगीत आसपवता.

पीएम 110

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल सेशेल्स खातीर १७५ दशलक्ष डॉलर्सच्या विशेष आर्थिक पॅकेजची घोषणा केली. हे पॅकेज सामाजिक गृहनिर्माण, ई-गतिशीलता, व्यावसायिक प्रशिक्षण, भलायकी, संरक्षण आणि दर्या सुरक्षा दितले अशे नवी दिल्लीत सेशेल्सचे राष्ट्राध्यक्ष डॉ. पॅट्रिक हर्मिनीची भेट घेतल्या उपरांत जोड पत्रकार परिषदेत उलयताना मोदी हाणी म्हळे. **byte package**

भारत आणि सेशेल्सन भलायकी, हवामानशास्त्र, इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान आणि सुशासन यासयत वेगवेगळ्या वाठारांत ७ समजीकायेच्या कबलातीचेर सय केल्या. हातुंत भारतीय हवामान विभाग आणि सेशेल्स हवामान प्राधिकरणामदले तांत्रिक आणि वैज्ञानिक सहकार्य आसपावता. भारत आणि सेशेल्स भूगोलानूच न्हय तर इतिहास, विश्वास आणि फुडारा खातीर सामायिक दृष्टिकोनान जोडलेले आसात अशे मोदी हाणी म्हळे. **BYTE**

MORN.PREZ-SEYCHELLES 80

भारताक भेट दिवपी सेशेल्सचे राष्ट्राध्यक्ष पॅट्रिक हरमिनीच्या सन्मानार्थ राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी राष्ट्रपती भवनांत खासा जेवणाचे आयोजन केल्ले. सेशेल्स कडेन भारताचे संबंद परस्पर विस्वास आनी आदर हांचेर आदारिल्ले आसात. हिंद म्हासागराचीं ल्हारां आनी आमच्या लोकां मदले खोल संस्कृतीक दुवे आमकां एकठांय बांदतात अशे ताणी मुखार म्हळे. ह्या वर्सा सेशेल्स स्वातंत्र्याचीं 50 वर्सां मनयता वांगडाच भारत-सेशेल्स राजनयिक संबंद 50 वर्सां पुराय करतात अशे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी सांगलें.

PM – MAURITIUS 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या मॉरिशसाचो समपदस्थ डॉ. नवीनचंद्र रामगूलम हांचे कडेन दूरध्वनीचेर संवाद सादलो. काल संवादांत दोनूय राश्ट्रांक एकठांय हाडपी खाशेले, इतिहासीक आनी लोक कैंद्रीत संबंद घटमूट करपाची बांदीलकाय तांणी परतून दाखयली अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें. तशेंच दोनूय फुडाऱ्यांनी व्यापक सहकार्यांतल्या उदरगतीचो नियाळ घेतलो. भारत आनी मॉरिशस एकठांय येवन हिंद म्हासागराच्या प्रदेशांत शांतताय आनी स्थिरताय हे वांटून घेतिल्ले उद्दिश्ट साध्य करतले अशें प्रधानमंत्र्यानी फुडें सांगलें.

MAHA-ZILLA PARISHAD POLLS 125

काल महाराष्ट्र राज्य वेंचणूक आयोगान निकाल जाहीर केल्ल्या 731 जाग्यांतल्या 552 सुवातांचेर भाजपा फुडारपणा खाला महायुतीन महाराष्ट्र जिल्हो परिषद वेंचणुकेंत व्हड जैत मेळयलां. सत्ताधारी युती भितर भारतीय जनता पार्टी (भाजपा) 225 सुवातानी पयल्या क्रमांकाचेर, अजीत पवाराच्या फुडारपणा खाला राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्ष (एनसीपी) 165 सुवातो आनी एकनाथ शिंदे फुडारपणा खाला शिवसेनेन 162 सुवातो जिखल्यो.

विरोधी पक्ष महाविकास आघाडींत काँग्रेसीक 55 सुवातो मेळ्ळयो, उद्धव ठाकरे फुडारपणा खाला शिवसेनेक 43 सुवातो जाल्यार शरद पवाराच्या फुडारपणा खाला राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्ष (सपा) 26 जागे मेळ्ळे. उरिल्ल्या जाग्यांचेर अपक्ष आनी ल्हान पक्षांचो आस्पाव आशिल्लो. सिंधुदुर्ग, सातारा, लातूर ह्या सारक्या जायत्या जिल्ह्यांनी भाजपा हो एकूच व्हडलो पक्ष म्हणून उदेलो जाल्यार अजीत पवाराच्या फुडारपणा खाला राकांपा पुणे जिला परिषदेचेर वर्चस्व गाजयतालो. 12 जिला परिषदांची मेजणी जाली, जाल्यार 125 पंचायत समित्यांचे निकाल जाहीर जाले.

मुखेल वेंचणूक अधिकारी 80

भारतीय वेंचणूक आयोगान अशोक कुमार हांची दिल्लीचे नवे मुखेल वेंचणूक अधिकारी म्हूण नेमणूक केल्या. 2006 बॅच आयएएस अधिकारी श्री कुमार, आयएएस आर ॲलिस वाज हांचे सुवातेर येतले. दिल्लीच्या मुखेल सचीवाक बरयल्ल्या पत्रांत अशोक कुमाराक दिल्लीचे मुखेल वेंचणूक अधिकारी कार्यालय बेगोबेग हातांत घेवचें पडटलें असो उल्लेख आयोगान केला. जानेरांत मतदान पॅनेलान दिल्ली सरकाराक मुखेल वेंचणूक अधिकारी वेंचपा खातीर तीन आयएएस अधिकाऱ्यांचें नावा सुचोवपाक सांगिल्लें.

शिवराज 75

भारत-अमेरिका वेपार कबलात ही राश्ट्रहिताच्या नदरेन सगळ्यांत बरी कबलात, जातूंत शेतकारांच्या हिताची पुरायपणान राखण केल्या अशें कैंद्रीय शेती मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. वेपार करारा वरवीं भारताच्या शेतकार, बायलां, आनी तरणाट्यांच्या सपनांक नवे बळगे मेळटले, जाका लागून तांकां प्रगती आनी उदरगतीच्या नव्या उंचायेर वचपाक शक्य जातले अशे उत्तर प्रदेशांतल्या मथुरा हांगा गोवर्धन परिक्रमेउपरांत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना शेतीमंत्री हांणी सांगलें. ह्या कबलातींत गंव, भाता सयत मुखेल कड्डणांचो पुराय आस्पाव केला असो दावो तांणी केला.

शाह - सीबीआय उक्तावण 110

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत जावपी 'सायबर आदारीत फटवणूक आडावप आनी ताचे फाटल्यान आशिल्ली यंत्रणा खंडीत करप' ह्या राष्ट्रीय परिशदेंत बीज भाशण दितले. ह्या निमतान केंद्रीय तपास ब्युरोच्या नव्या सायबर गुन्यांव फांट्याचेंय उक्तावण करतले. तशेंच गृह मंत्रालयाच्या खाला आशिल्ल्या भारतीय सायबर गुन्यांव समन्वय केंद्राच्या राज्य सायबर गुन्यांव समन्वय केंद्राच्या डॅशबोर्डाचें अनावरण करतले. सीबीआय आय4सीच्या सहकार्यान दोन दिसांच्या परिशदेचें आयोजन करता. भारतांतल्या सायबर आदारीत फटवणुकेच्या प्रमाण, प्रवृत्ती आनी विकसीत जावपी स्वरुपा विशीं एक समान समजूत निर्माण करप हो परिशदेचो मुखेल हेत आसा अशें गृह मंत्रालयान सांगलें.

सीआयएसएफ-वंदे मातरम सायक्लोथॉन 80

केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळ आयज देशभरांतल्या 'वंदे मातरम सायक्लोथॉन 2026' सर्तीचें बावटो दाखोवन उक्तावण करतले . 65 सीआयएसएफ सायकल चलोवप्यांचो पंगड ह्या मोहिमेक लागून दर्यादेगेवेल्या णव राज्यांनी आनी चार संघराज्य प्रदेशांनी भोंवतले. दर्यादेगेवेल्या समाजांक ड्रग्स तस्करी, शस्त्रांची तस्करी आनी स्फोटक पदार्थांची हालचाल अशा धोक्यांची जाणविकाय करप, तशेंच नागरिक आनी सुरक्षा यंत्रणा हांचे मदीं समन्वय घटमूट करपाचो हे सायक्लोथॉन हेत आसा. महाराष्ट्रांत आयज तारापूर सीआयएसएफ युनिटा वयल्यान सायकलोथॉनाचें उक्तावण जातले आनी ह्या म्हयन्याच्या 14 तारखेक रत्नागिरींत सोंपतले आनी उपरांत हो पंगड गोंयांत येतलो.

आयसीसी - पाकिस्तान बांगलादेश 80

दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषक 2026च्या सगळ्या मॅचींनी पाकिस्तान वांटो घेतले हाची खात्री आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मंडळान केल्या, तातूंत 15 फेब्रुवारीक भारता आड जावपी मॅच लेगीत आसपवता, विश्वचषकान वांटो घेवपाच्या अटींचो सगळे वांगडी मान राखतले आनी विश्वचषकाची ही आवृत्ती यशस्वी करपा खातीर गरजेचें सगळें करतले अशें पाकिस्तानान मान्य केलां.

तशेंच बांगलादेशान स्पर्धेंत वांटो घेवना तरी बांगलादेशाक ख्यास्त दिवची ना आनी आयसीसीच्या मानक येजमानकी पद्दती आनी गरजांक पाळो दिवन आयसीसी दादल्या क्रिकेट विश्वचषक 2031 पयलीं आयसीसी सर्त आयोजीत करपाची संद मेळटली हाची पुश्टी आयसीसीन केली.